Panaji National 08 June 2026 6:30 pm

आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवीं प्राप्ती गांवकर तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 68

आयज सरकारान गरीबांच्या कल्याणा खातीर समर्पीत केल्ल्या 12 वर्सांच्या प्रवासाचेर आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भर दिलो. तांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत - भारतांत जायते बदल घडल्यात, ह्या बदलांच्या मुळाक गरीबांचें कल्याण आनी कुशीक काडिल्ल्या वर्गांचें हित पळयला अशें तांणी नदरेक हाडलें.

Byte

'अंत्योदय' ह्या  सरकारान सातत्यान प्रेरणा घेतल्या आनी दशकां सावन प्रगतीच्या मुखेल प्रवाहांतल्यान वगळिल्ल्या लोकांक उदरगतीचो फायदो मेळचो हाचे खातीर सातत्यान यत्न केला अशें तांणी सांगलें.

संवसारीक म्हासागर दीस 40

संवसारीक म्हासागर दीसा निमतान म्हासागर आनी दर्यांतले जिणेची राखण करपाचे आनी दर्यांतले जीव सांबाळपाचे आवाहन पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल राज्यमंत्री कीर्ति वर्धन सिंग हाणी सगळ्या नागरिकांक केला. तशेंच भलायकेन भरिल्ल्या ग्रहा खातीर एकठांय काम करपाचो उलो तांणी ह्यावेळार मारला.

अस्तंत आशिया हल्लो  64

अस्तंत आशियांत नव्यान सुरू जाल्ल्या हल्ल्या विशीं भारतान हुस्को उक्तायला. आंतरराष्ट्रीय समुदाया खातीर ही घडणूक गंभीर आसा अशें विदेश मंत्रालयान एका निवेदनांत नदरेक हाडलां. तणाव बेगोबेग उणो करचो आनी नागरीकांचे  कसलेंच लुकसाण जावचें न्हय हे खातीर खबरदारी घेवची असो उलो भारतान सगळ्या पक्षांक मारला. ते भायर ह्या वाठारांत शांतताय आनी स्थिरताय परतून हाडपा खातीर उपाय सोदून काडपाचो हेत आशिल्ली चर्चा घडोवन हाडतले अशे म्हणला.

एलपीजी 70

अस्तंत आशियांत युद्धजन्य परिस्थिती चालू आसून लेगीत देशांत कच्चे तेल, एलपीजी आनी सैमीक वायूची पुरवण स्थीर आसा अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान सांगलां. देशभरांत पेट्रोल, डिझेल आनी एलपीजीचो फावो तो सांठो उपलब्ध आसा अशे आयज दनपारां नवी दिल्लींत आंतर मंत्रालयीन म्हायती दितना मंत्रालयांतले अतिरिक्त सचीव प्रवीण खानुजा हांणी सांगलें.

Byte

अखंड इंधन पुरवण सुनिश्चीत करपा खातीर आनी उर्जेची सुरक्षीतताय तिगोवन दवरपा खातीर सरकारान जायते उपाय केल्यात अशें तांणी म्हणला.

किरेन रिजिजू आकाशवाणी 40

आकाशवणीक नव्वद वरसा पुराय जाली , ह्या भांगराळ्या खिणाखातीर मंत्री किरेन रिजिजू हाणी आकाशवाणिक परबी भेटयल्या. आयज आकाशवाणीच्या माध्यमातल्यान पुराय देश एकठाय आयला, आकाशवाणीच्या माध्यमातल्यान 'एक भारत श्रेष्ठ भारत' ह्या विचाराक घटाय येता अशे मंत्री किरेन रिजिजू हाणी विडियो संदेशांत म्हळा.

पीयूष गोयल 77

देशभरांतल्या शंबर उद्देगीक उद्यानांची उदरगत नेटान जावची हे खातीर केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी आयज भव्य पोर्टलाचे उक्तवण केलें. मल्टीमोडल जोडणी, विस्वासांत घेवपा सारकी उपयुक्तताय प्रणाली, डिजिटल गव्हर्नन्स यंत्रणा, कामगारांक आदार दिवपी मुळावी बांदावळ, आनी टिकावू उदरगत वैशिश्ट्यां सयत एकत्रीत उद्देगीक पर्यावरण प्रणाली तयार करपाचो या या पोर्टलाचो हेत आसा अशे नवी दिल्लींतल्या मेळाव्यांक संबोधीत करतना पीयूष गोयल हांणी सांगलें. तशेंच ह्या पोर्टला वरवीं राज्यां खातीर पारदर्शकता, कार्यक्षमताय आनी सहभागाची सोय वाडटली अशें म्हणला.

खेळ

आयज न्यू चंडीगढांतल्या महाराजा यादविंद्र सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत जाल्ले कसोटी क्रिकेट सरतींत भारतान अफगाणिस्तानाक एक डाव आनी 300 धांवड्यांनी मात करून आतां मेरेनचो सगळयांत व्हडलो कसोटी जैत मेळयलो.

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान भारतीय हवामान खात्यान दर्यादेगेवेल्या कर्नाटकांत बुधवार मेरेन उटंगराचो पावस पडट्टलो अशे सांगला आनी रेड अलर्ट जारी केला.

इतले मजगती दिल्ली , हरियाणा , चंदीगड आनी पंजाबांत बेरेस्तार मेरेन उष्णतायेचे वातावरण आसतले असो भारतीय हवामान खात्याचो अदमास आसा. तशेच फाल्या ओडिशा , आंध्र प्रदेश या वाठारांनी उष्णतायेचे वातावरण आसतले असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो.

आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले – फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर.